# "घुंवळे वखदांक ना म्हणात"  रील मेकिंग सर्त

ता. 30 जानेवारी 2026

घुंवळे वखदांच्या गैरवापरा आड जागरूकताय करपा खातीर आनी निरोगी, सकारात्मक जीणेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर समाज कल्याण संचालनालयान रील मेकिंग सर्तीत सहभागी जावपाक आमंत्रण दिला. भारत सरकारच्या सामाजिक न्याय आनी सक्षमीकरण मंत्रालयान तयार आनी अंमलबाजावणी केल्ल्या घुंवळे वखदांची मागणी कमी करपा खातीर राष्ट्रीय कृती आराखडो (NAPDDR) ह्या केंद्रीय येनजणे अंतर्गत ही सर्त आयोजीत केल्या.

"घुंवळे वखदांक ना म्हणात" (जागरूकताय, प्रतिबंध आनी सकारात्मक जीणेची निवड) ह्या विशयाचेर रील मेकिंग सर्त दोन गटांत आयोजीत केल्या- विद्यार्थी गट आनी सामान्य नागरीक गट अशा दोन गटांत आयोजीत केल्या.

रीलाची कालमर्यादा कमीत कमी 60 सेकंद आनी चडात चड 90 सेकंद आसपाक जाय. रील Instagram चेर @socialwelfare.goa, @yuva.panaji हाचेकडेन जोडिल्ले आसपाक जाय. रीलांत कसलोय स्पश्ट, अपमानास्पद, हिंसक वा अयोग्य कंटेंट वापरपाक परवानगी आसची ना. रील मूळचें आसापक जाय. कसलोय दुसऱ्या पसून तयार केल्लो वा कॉपी केल्लो कंटेंट अपात्र थारायतले. रील इंग्लिश, हिंदी, कोकणी वा मराठीत आसपाक जाता. सबटायटल्सांक प्रोत्साहन आसतले. 50 टक्के सर्जनशीलताय आनी 50 टक्के कंटेंट आनी मेसेज स्पश्टता हे निर्णायक निकश आसतले. लाइक्स, व्ह्यूज वा रीच विचारात घेवचे ना. रीलात कसल्याय स्वरूपात ड्रग्जचो प्रचार वा व्हडवीक आसपाक जायना.

रील अपलोड करपाची निमाणी तारीख 8 फेब्रुवारी 2026 आसा. निवड जाल्ली रील जागरूकताय हेतूं खातीर वापरपाचो अधिकार आयोजकांक राखीव आसा. दोनीय गटातल्या सर्ती खातीर पयले इनाम 10,000/- रूपया, दुसरे इनाम 8,000/- रूपया, तिसरे इनाम 6,000/- रूपया आनी दर एकी 4,000/- रूपयांची 5 उमेद वाडोवपी इनामां आसात.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/87

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.